नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :23 /03/2025 7.20 pm

प्रादेशिक खबरो

मुखेल खबरो

गोंय विधानसभेचे अर्थसंकल्पी अधिवेशन फाल्या सोमारसावन सुरू जाता.

भारत देशाक प्रगतशील करपाखातीर प्रत्येकाच्या मनान राष्ट्रवादाची भावना आसप गरजेचें आसा अशें भारतीय जनता पक्षाच्या गोंय फाट्याचे मुखेली दामु नायक हाणें म्हळा

भलायकी सेवा संचालनालयाच्या आयुष विभागाच्या राज्य आयुष सोसायटी गोंय हांणी प्रधानमंत्री योगा पुरस्कार वर्स 2025 खातीर ऑनलायन अर्ज मागयल्यात

गोय मुक्ती चळवळीचे प्रणेते डॉ. राम मनोहर लोहिया हांची ११५ वी जयंती आज मडगाव हांगा मनयली.

गोंय तियात्र अकादममीन रवींद्र भवन बायणाच्या जोडपालवान 24मार्च सावन 28 मार्च मेरेन तियात्र महोत्सवाचें आयोजन केलां.

-------------------

गोंय विधानसभेचे अर्थसंकल्पी अधिवेशन फाल्या सोमारसावन सुरू जाता. विवीध प्रस्न आनी समस्यांच्यो जापो दितना सरकाराची कसोटी लागतली. सरकारा वतीन फाल्या पयले दिसा तीन दुरूस्ती विधेयकां सादर जातली.

फाल्यां सोमारा पयल्या दिसा प्रश्नोत्तराच्या सत्रा उपरांत मरण आयिल्ल्यांक

सभाघरांत आर्गां ओंपतले. आदले आमदार लवू मामलेदार, गोमंत विभूशण पुरस्कारान सन्मानीत जाल्ले सर्गेस्त प्रभाकर कारेकार, अयोध्येंतले राम मंदीराचे मुखेली पुजारी आचार्य सत्येंद्र दास हांचे सयत हेरांक आर्गां ओंपतले. परबीं दिवपाच्या प्रस्तावा उपरांत सभाघरांत विवीध तरेचे अहवाल सादर करतले.

अधिवेशनाच्या पयल्या दोन दिसांनी जेवणा उपरांत राज्यपालांच्या अभिभाशणाचेर चर्चा जातली. तिसऱ्या दिसा २६ मार्चाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे २०२५ - २६ वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करतले.

सोमारा तीन दुरूस्ती विधेयका सादर करतले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे गोंय राज्य संशोधन फावंडेशन दुरूस्ती विधेयक तशेंच खाजगी विद्यापीठ दुरूस्ती विधेयक सभाघरांत सादर करतले. मजुर आनी रोजगार मंत्री बाबूश मोन्सेरात हे रोजगार विनिमय (खासगी नोकरींची अधिसुचवणी) दुरूस्ती विधेयक २०२५ सादर करतले. खासगी कंपनींनी रोजगार विनिमय केंद्राक भरती करपी नोकऱ्यांची म्हायती दिवंक ना जाल्यार दंडाची तजवीज ह्या विधेयकांत आसा.

भारत देशाक प्रगतशील करपाखातीर प्रत्येकाच्या मनान राष्ट्रवादाची भावना आसप गरजेचें आसा अशें भारतीय जनता पक्षाच्या गोंय फाट्याचे मुखेली दामु नायक हाणें म्हळा.

भारतीय जनता पक्षाच्या दक्षिण गोयातल्या पयल्या पक्षाच्या वावुरपाच्या मेळाव्याचे शेनवारा राती दाबोळे जाल्यार आयज दनपरां दुसऱ्या मेळाव्याचे वास्को मेळाव्यांत उलयताना नायक हाणें म्हळा, की भारतीय जनता पक्षाची स्थापना एप्रिल १९८० सालांत जाली तरी सुरवेक जनसंघाच्या नावान पक्षाच्या फुडाऱ्यांनी देश उभारणेन कितलेंशेंच योगदान दिल्लें आसा. अटलबिहारी वाजपेयी आनी लालकृष्ण अडवाणी सारख्या फुडाऱ्यांनी रातीचे दिस करून हो पक्ष उबो केल्लो आसा. ह्या पक्षाकडे शिस्त म्हण्टा ती आसा हाचें भान दवरून वावुरप्यांनी काम करपाक जाय. हेर पक्षातले फुडारी भाजपान आयले तरी पक्षाच्या वावुरप्यांनी

ताचेर चर्चा करचे परस राष्ट्रभावनेन काम करपाचेर भर दिवपाचें विचार करपाकजाय अशें पक्षाचे फुडारी दानु नायक हाणें म्हळा. आमदार दाजी साळकार हाणें गोंयात भारतीय जनता पक्षाचे सरकार सत्तेर येत सांवन आता मेरेन जवळ जवळ ४०० ते ५०० कोटी रुपयांची कामा जालिल्याचे म्हळा. ह्यावेळार नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार, पक्षाचो दक्षिण गोंय मुखेली पांडुरंग गांवकर तशेंच हेर वावुरपी हाजीर आसले.

भलायकी सेवा संचालनालयाच्या आयुष विभागाच्या राज्य आयुष सोसायटी गोंय हांणी प्रधानमंत्री योगा पुरस्कार वर्स 2025 खातीर ऑनलायन अर्ज मागयल्यात. योगाचो प्रसार आनी विकासा खातीर उत्कृश्ट योगदान दिवपी व्यक्ती/संस्थांची दखल घेवन तांचो भोवमान करपा खातीर प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार योगा पुरस्कार दिवपाचे जाहिर केला.

ऑनलायन अर्ज MyGov पोर्टला वयल्या https://innovateindia.mygov.in/pm-yoga-awards-2025 ह्या लिंकाचेर धाडचे. ऑनलायन अर्ज धाडपाची निमाणी तारीख 31 मार्च 2025 आसा.

गोय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या he Departments of Medicine and Pediatrics आनी Medical Education Cell वरवी Hemophilia Conclave 2025, ही कार्यावळ जाली. ह्यावेळार advance hemophilia care and management. ह्या विशयाचेर चर्च जाली. ह्या कार्यावळीक मुखएल सोयरे म्हण भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे तशेच दिल्ली aims ची नामनेची haematologist तुलीका सेठ मानाची सोयरी म्हण हाजीर आशिल्ली. “ट्रांसफॉर्मिंग हिमोफिलिया केअर” ह्या नांवान ह्या कार्यावळीत हिमोफिलिया उपचारांतल्या नव्या प्रगतीचेर, अभिनव वेवस्थापन पद्दतीचेर आनी दुयेंतीचे परिणाम सुदारपा खातीर रणनितीचेर भर दिलो.

हिमोफिलिया फेडरेशन ऑफ इंडिया खाला गोंयांतल्या हिमोफिलिया दुयेंतींक सेवा दिवपी दुयेंती संस्था हिमोफिलिया सोसायटी पणजी चप्टर हे संस्थेन ही कार्यावळीत वाटो

गोय मुक्ती चळवळीचे प्रणेते डॉ. राम मनोहर लोहिया हांची ११५ वी जयंती आज मडगाव हांगा मनयली.

ह्या निमितान आज मडगावच्या लोहिया मैदानात जाल्ल्या सुवाळ्यात सुटके झुजारी वसंत नाईक हाणी तानच्या पुतळ्याक फुलां ओपून आर्गां ओपली.

ह्या वेळार क्रांती दिस सुवाळो समितीचे अध्यक्ष अविनाश शिरोडकर आणि हेर मानेस्त हाजीर आसले.

लोहिया मैदान हे एक पवित्र स्थळ जावंन आसा आणि ह्या स्थळाचे पावित्र्य सगळ्यांनी राखचें असो उलो शिरोडकर हाणी ह्या वेळार मारलो.

गोंय तियात्र अकादममीन रवींद्र भवन बायणाच्या जोडपालवान तियात्र महोत्सवाचें आयोजन केलां. हो महोत्सव 24मार्च सावन 28 मार्च मेरेन सांजे 4 वरांचेर जातलो. ह्या महोत्सवावेळार पुरूमेंताचें फेस्त आयोजीत केला अशी म्हायती गोंय तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्वोझा आनी रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष जयंत जाधव हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली. ह्या महोत्सवाचे उक्तावण भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांचे हस्तुकी जातले .  रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष जयंत जाधव आनी .गोंय तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोसा हाजिर आसतले.

२७ मार्चक मुरगावचे आमदार संकल्प आमोणकर हे मुखेल सोयरे म्हण हाजिर आसतले. ह्या महोत्सवाचो समारोप सुवाळो शुक्रार, 28 मार्चाक् जातलो. ह्या समारोप सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हण येरादारी मंत्री मावीन गुदिन्हो, तशेच आमदार कृष्णा साळकार, रवींद्र

भवनाचें अध्यक्ष जयंत जाधव आनी तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोसा उपस्थीत आसतले. हो महोत्सव सगल्या खातीर उक्तो आसा आशे जाळवणदारनी कळीत केला .

गोमंतक साहित्य सेवक संघ गोवा तर्फे दिलो वचपी सर्गेस्त ब्रह्मराज गजानन देसाई यादस्तिक पुरस्कार 2024-2025 केरी सत्तरी हांगासल्ल्या श्री चंद्रशेखर गावस हांच्या झाला माझी भावस्पंदने या ललित पुस्तकाक फाव जालो. श्री चंद्रशेखर गावस हांच्या माझी भावस्पंदने या पुस्तकाक फलटण हांगसर छत्रपती संभाजी महाराज पुरस्कार फावो जाल्लो. या पुस्तकाचेर अनेक शिक्षण संस्थांनी पेपर वाचन जाला .

श्री चंद्रशेखर गावस हांका हो साहित्य पुरस्कार 27 मार्च 2024 दीस पणजे हांगसर भेटयतले अशी माहिती आयोजकानी दिल्या.

साखळी शिमगोत्सव समिती आनि गोंय पर्यटन खातें हांच्या जोडपालवान 27 आणि 28 मार्च 2025 हे दोन दीस शिमगोत्सव महोत्सवाचे आयोजन जातले. ही माहिती शिमगोत्सव समितीचे कार्याध्यक्ष श्री दयानंद बोर्येकर हाणीं दिल्या. हे विषयी अधिक माहिती दितना तांणी सांगले की 27 मार्च 2025 दिस दोन गटातल्यान वेशभूषा सर्त जातली उप्रांत डेस्टिनी म्युझिक अकडमी संगीताची कार्यावळ

सादर करतलो. 28 मार्च सांजवेळाचेर मुखेल शिमगोत्सवाक सुरुवात जातली .या सुवाळ्यांक गोंय राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हुणून हजर आसतले. तांचे वांगडा नगराध्यक्ष सिद्धी परब आनि साखळी मतदारसंघातले सगळे सरपंच ,उपसरपंच, पंच नगरसेवक हजर आसतले. महोत्सवात वेळेचे बंधन पाळटले अशें सांगून महोत्सवाक वेळाचेर सुरवात जातली. त्या खातीर रोमटामेळ लोकनाच आनि चित्ररथ पंगडांनी वेळार हजर रावंक जाय कशें आयोजकानी सांगले. अंदू वर्सा शिमगोत्सव मिरवणूक साखळी सरकारी

हॉस्पिटल ते छत्रपती शिवाजी महाराज चौक यादरम्यान जातलो आनि ते खतिर रोमटामेळ चित्ररथ आणि लोक नाच आस्वाद घेवपी लोकांखातीर खास आसन व्यवस्था करतलें अशे आयोजकानी कळयला.

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान मात्शें उणे जाला मात फुडल्या सात दिसानी राज्यांतलें तापमान चडांत चड ३४ ते३५ आंव सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २४ अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.हवामान खात्याच्या स्वयंचलीत केंद्राच्या नोंदी प्रमाण चडांत चड तापमान मोपा ३६.४अंश सेल्सियस,पेडण्या ३६.१ अंश सेल्सियस,म्हापशां३४.३ अंश सेल्सियस इतलें आसा.पणजेंत उण्यांत उणे तापमान २२.४अंश सेल्सियस आनी मूरगांवां २३.९अंश सेल्सियस इतलें आशिल्लें.२३मार्च तें २६ मार्च मजगतीं राज्यांतलें हवामान मान सुकें उरपाची शक्यताय आसा.वयल्या कांय दिसांनी सकाळीं कांय सुवातानी सुकें पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

नमस्कार